# गोंय क्रांती दिसानिमतान राज्यपालाचो संदेश

ता. 17 जून 2023

गोंयचे राज्यपाल श्री. पी. एस. श्रीधरन पिल्लई हांणी गोंयच्या लोकांक आनी खास करून स्वातंत्र्य सैनिक भावां-भयणांक गोंय क्रांती दिसाची परबीं भेटयल्या.

राज्यपाल आपल्या संदेशात म्हणटा, "गोंय क्रांती दिसाच्या शुभ प्रसंगार हांव गोंयच्या लोकांक आनी खास करून स्वातंत्र्य सैनिक भावां-भयणांक परबीं भेटयता. 18 जून- गोंय क्रांती दीस हो गोंयच्या इतिहासातलो विसरूंक जायना असो दीस. 18 जून 1946 दिसा डॉ. राम मनोहर लोहिया आनी डॉ. ज्युलियो मिनेझिस हांणी पोर्तुगीजांच्या सत्तेआड नागरी आज्ञाभंग चळवळ सुरू केली. डॉ. राम मनोहर लोहिया हांणी मडगांवच्या आताच्या लोहिया मैदानावयल्यान पेटयिल्ल्या किटीचे रूपांतर गोंयकारांच्या काळजांत व्हड ज्वाळेत जाले. हे दोन मनीस क्रांतीची सुरवात करपाक जापसालदार आशिल्लें. ह्या क्रांतीतल्यान गोंयचें नागरी स्वातंत्र्य परत मेळोपाक शकले. तांणी 18 जून 1946 दिसा मडगांवा पोर्तुगीज सत्तेतल्यान गोंयांक मुक्त करपा खातीर स्वातंत्र्याची ज्योत पेटयली आनी निमाणे 19 डिसेंबर 1961 दिसा गोंय परकीय सत्तेतल्यान मुक्त जालें.

ह्या दिसा आमी गोंयच्या लोकांच्या तशेंच परकीय सत्तेतल्यान गोंयांक मुक्त करपा खातीर आपूण जावन मुक्ती चळवळीत सामील जाल्ल्या देशाच्या हेर विंगड विंगड वाठारांतल्या लोकांच्या धाडसी चळवळीचो उगडास करतात. गोंयची क्रांती ही गोंयच्या लोकांच्या जिद्दी भावनेची परीक्षा आशिल्ली, जांणी जुलूमशायेमुखार बागवपाक नकार दिलो आनी आपल्या हक्कांखातीर सतत संघर्श केलो. गोंय मुक्ती चळवळीच्या कठीण काळांत जांणी आपल्या जीणेचो त्याग केलो, कुटुंबापासून पयसावले आनी भरपूर छळ आनी पिडा भोगली तांचो उगडास करून तांकां आर्गां ओपप चड म्हत्वाचे आसा. स्वातत्र्या खातीरच्या तांच्या निश्चयी समर्पित भावनेन गोंयच्या इतिहासात नव्या पर्वाचो प्रारंभ जालो.

आयच्या ह्या उगडासाच्या प्रसंगार आमी सगळ्यांनी बऱ्या खातीर आनी गोंय एक आदर्श राज्य करपा खातीर काम करपाचो सोपूत घेवया, अशें राज्यपाल म्हणटा.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2023/507

--

---------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.